## राज्य पांवड्यावयलो 77वो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो

## संविधानिक मूल्यां आनी विकासाचेर भर दिवपाचो राज्यपालाचो उलो

ता. 26 जानेवारी 2026

77 वो भारतीय प्रजासत्ताक दीस सुवाळो आयज गोंय विद्यापीठ मैदानाचेर देशभक्ती आनी उमेदीच्या भावनेन मनयलो. भारत देशान आपले संविधान स्विकारील्ल्याचो इतिहासीक दीस मनोवपाक आनी संविधानान नागरिकांक दिल्ली लोकशाय मुल्यां उखलून धरपाक, लोकशाय संस्थां मजबूत करपाक आनी आमच्या राष्ट्राची प्रगती आनी एकजूटी खातीर एकवटान काम करपाक आमच्या सामुदायीक वचनबद्दतायेची खात्री दिवपाक व्हडा संख्येन नागरिक, विद्यार्थी आनी प्रशासनातले अधिकारी सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक राज्यपाल श्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली. आनी उपरांत जनतेक उद्देशून उलवप केले.

राज्यपाल श्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आपल्या भाशणात, संविधान हे देशा खातीर दीपस्तंभ आशिल्ल्याचें सांगलें, जे न्याय, स्वातंत्र्य, समानता आनी भावपणाच्या आदर्श मुल्यांचे मूर्त रूप आसा. प्रजासत्ताक दीस हो प्रत्येक नागरिकाक ह्या मूल्यांचे समर्थन करपाक आनी लोकशाय संस्थांक मजबूत करपाक आपली जापसालदारकी स्विकारपाची संद दिता. विकसित भारत 2047 च्या दिकेन केंद्र सरकारान सुरू केल्ल्या प्रयत्नांचेर उजवाड घालतना राज्यपालान नमूद केले की, ह्या राष्ट्रीय उद्दीश्टाच्या धर्तेर गोंय राज्यान सामाजीक न्याय वेवस्थे सयत एकवटीत अर्थिक वाड, पर्यावरणीय जापसालदारकी सयत तंत्रज्ञान प्रगती आनी सांस्कृतीक दायजाच्या जतनाये सयत दीर्धकाळाच्या आनी आस्पावीत विकासाच्या दुरदृश्टीतल्यान **विकसीत गोंय @2037** च्या उद्दीश्टा कडेन वाटचाल सुरू केल्ल्याचे सांगलें.

सरकारान अनेक कल्याणकारी येवजण्यों सुरू करून लोकांची जीण सुदारपाचेर आनी लोकांक थाकाय दिवपाचेर भर दिल्लो आसा. ग्रामीण समाज आनी बायलांचे सशक्तिकरण, कुशळटाय आनी सक्षमताय वाड हाचेर सरकारान भर दिल्लो आसा. शिक्षण हे गोंयच्या उदरगत धोरणाची मजबूत बुन्याद आसा हे लक्षात घेवन सरकारान उच्च शिक्षण, विज्ञानिक संशोधन साधनसुविधां, भाशीक तंत्रज्ञान, शिक्षणशाखा विकासातली गुंतवणूक आनी शिक्षण संस्थां आनी उद्देगांच्या सहकार्यातल्यान आधुनिक शिक्षण आनी इनोव्हेशन हब म्हूण गोंयचे स्थान मजबूत करपाचेर भर दिला, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

गोंयची सांस्कृतीक समृध्दी, जैवविविधताय आनी पर्यावरणाचे दायज राज्याच्या प्रतिश्ठेत भर घालता आनी त्या खातीर ह्या दायजाचो आमी सांबाळ करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार राज्यपालाहस्तुकीं विविध क्षेत्रांत उत्कृश्ट कार्य आनी सेवा केल्ल्या व्यक्तिंचो भोवमान केलो. तशेंच सरकारी सेवेतल्या अधिकाऱ्यांक पदकां भेटोवन सन्मान केलो.

सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय राज्यमंत्री श्री श्रीपाद नाईक, वीजमंत्री श्री रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर, कॅनडाचे ईसीए आमदार श्री राजन सावने, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, आयएएस, पुलीस महासंचालक, वरिष्ठ सरकारी अधिकारी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

सुवाळ्यात नौदळ, सशस्त्र दळ, गोंय पुलीस, होमगार्ड्स, एनसीसी आनी शालेय विद्यार्थ्यांच्या पंगडांचे संचलन जाले. शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचेर गीतां आनी नाच सादरीकरण केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/70

--

---------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.